**संवसारीक पर्यावरण दीस मनयलो**

ता. 4 जून 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज संवसारीक पर्यावरण दिसानिमतान रानां खात्यान कांपाल पणजी हांगा आयोजीत कार्यक्रमात लोकांक फुकट झाडांची रोंपां वाटपाच्या मोहिमेचो शुभारंभ केलो. झाडांची रोंपां वाटपाची ही मोहिम तीन म्हयने चलतली लोकांक खात्याच्या 23 रोपवाटिकांतल्यान फळझाडां, शोभेची झाडां आनी वखदीं झाडांची रोंपां फुकट वाटपात येतली.

ह्या वर्साच्या संवसारीक पर्यावरण दिसाची संकल्पना "जीव-जैविकतेचो सांबाळ" अशी आसा. रानां खात्यावतीन ह्या वर्सा पाच लाख झाडांची रोंपां वाटपात येतली.

शेतकांर आनी हेर जमीन मालकांक रानां खात्याकडेन नोंदणी करपाखातीर सुरू केल्ल्या व्हेब पोर्टलाचोय ह्या वेळार मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं शुभारंभ केलो. सरकारान झाडां लागवडीक प्रोत्साहन दिवपाखातीर नोंदणीकृत नवीन वेपारी झाडां लागवड वाठांर आनी खाजगी बिनरानां जमनीचेर ह्या फुडें लागवड करपात येवपी सगळी झाडां गोंय झाडां सांबाळ कायदो 1984 च्या तरतुदीतल्यान वगळल्यात आनी ताका लागून शेतकारांक आनी जमीन मालकांक अर्थिक फायद्याखातीर वेपारी तत्वाचेर झाडां लागवड करपाक प्रोत्साहन मेळटले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान आवाळ्याचे झाड रोवन संवसारीक पर्यावरण दिसाचो शुभारंभ केलो. मुख्य सचीव श्री. परिमल राय, पणजीचे महापौर श्री. रोहित मोन्सेंरात, उपमहापौर श्री. वसंत आगशीकार, नगरसेवक श्री. उदय मडकयकार, प्रधान मुख्य रानपाल श्री. सुभाष चंद्रा, श्री. संतोष कुमार हांणीय ह्या वेळार झाडांची रोंपां रोयलीं.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं वनस्पतीशास्त्र अभ्यासक अर्जून आदित्य हांणी बरयिल्ल्या "ट्रीज ऑफ पणजी" ह्या पुस्तकाचे प्रकाशन जालें. तशेंच गोंय राज्य वखदीं रोंप मंडळाच्या "द मॅजीकल इम्युनीटी हर्ब्स" म्हायती पुस्तीकेचेय विमोचन केले. पर्यावरण सांबाळपाच्या योगदानाखातीर देऊ गाड, सिरीलीयो नोरोन्हा, गोकुळदास गावडे हांका प्रशस्तीपत्रां भेटयली.

रान प्रशिक्षण शाळेचे प्राचार्य श्री. अमर हेबळेकर हांणी कार्यावळीचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/515

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji